# लोकांनी गिमाळयात दुयेंसा जावची न्हय म्हुण खबरदारी घेवची

ता.20 एप्रिल 2018
30 चैत्र 1940

चालू गिमाळाच्या आनी पावसापयलीच्या दिसांनी दुशीत अन्न आनी उदकाक लागून जोर, हाग-ओक, कामीण, पोटदुखी अशा तरेच्या दुयेंसानी वाड जावपाची शक्यता आसा आनी ते खातीर भलायकी सेवा संचालनालयान योग्य खबरदारी घेवपाचो सल्लो दिला.

लोकांनी नितळसाण बाळगूची, नितळ वातावरणात अन्न शिजोवचे, जेवचे-खावचे पयली हात नितळ धुवचे, घरात, रांदचे, कुंडीत नितळसाण दवरची, उगडयार कोयर उडोवचो न्हय, जेवण रांदपाची आयदनां नितळ आसची, नुस्ते, मांस, चिकन ताजे आशिल्ल्याची खात्री करून घेवची, अन्न बरे तरेन शिजोवचे, फ्रिजात चड दिस अन्न दवरचे न्हय, खराब जाल्ले अन्न जेवचे न्हय, अन्न उगडयार दवरचे न्हय, पिवपाचे उदक निवळ आसचे वा ते गरम करून पियेवचे, फळां-भाज्यो बरे तरेन धुवन घेवच्यो, रस्त्याकडेन विकपात येवपी फळां ज्यूस, मिल्कशेक आनी हेर पदार्थ खावचे न्हय.  तशेंच खास करून प्रवास करपी लोकांनी वांगडा उदक आनी मिठ-ग्लुकोज मिश्रीत पेया पिवची.